## राज्य सांस्कृतिक पुरस्कार जाहीर

ता. 23 नोव्हेंबर 2023

कला आनी संस्कृती संचालनालयान गोंय राज्य सांस्कृतिक पुरस्कार आनी उत्कृश्ट सांस्कृतिक संस्था पुरस्कार 2023-2024 जाहीर केल्यात. कला आनी संस्कृती संचालनालय संगीत, नाटक/तियात्र, लोककला, भजन, कीर्तन अशा मळार उत्कश्ट योगदान दिवपी कलाकारांक गोंय राज्य सांस्कृतिक पुरस्कार भेटोवन भोवमान करता.

गोंय राज्य सांस्कृतिक पुरस्कार 2023 - प्रदीप शिलकर, फोंडे, (भारतीय संगीत), श्रीधर बर्वे, बार्देस (भारतीय संगीत), शिवराय फोंडेकर, केपे नाटक (भारतीय संगीत), नरेश कडकडे, दिवचल (नाटक), होर्टेंसियो परेरा, केपे (तियात्र), मेनिनो फर्नांडिस (मेनिनो डी बांदार), शाश्ट (तियात्र), तुकाराम शेट, बार्देस(साहित्य), फा.मॅन्युएल गोम्स, साश्ट (साहित्य), शैलेशचंद्र पी. रायकर, साश्ट(साहित्य), विठ्ठल गावस, दिवचल (साहित्य), उल्हास पाळणी, पेडणे(भजन) आनी ज्ञानेश्वर वाडजी, तिसवाडी (ललितकला) हांका वैयक्तिक जाल्यार कला शुक्लेंदू, पणजी ह्या संस्थेक 2023-24 चो सर्वोत्कृश्ट सांस्कृतिक संस्था पुरस्कार फावो जाला.

वैयक्तिक गोंय राज्य सांस्कृतिक पुरस्कार 1,00,000/-( एक लाख रूपया) श्रीफळ, शाल, प्रमाणपत्र आनी नटराज प्रतिकृती आनी सर्वोत्कृश्ट सांस्कृतिक संस्था पुरस्कार रोख रु. 3.00 लाख, प्रमाणपत्र आनी यादस्तीक स्वरूपात भेटोवपात येता.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/908

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.